प्रादेशिक खबरो २७.०३.२०२६ @ ७.२५ am

LPG Rashmi – 150

देशभरात एलपीजीचो उणाव ना सरकारकडे ७४ दिसांची एकुण राखीव क्षमता आसा अशे आश्वासन सरकारान दिला. भारताकडे ७४ दिसांची एकूण राखीव क्षमता आसा आणि कच्च्या तेलाचो साठो, उत्पादित तेलाचा साठो आणि प्रत्यक्ष साठो सध्या सुमार ६० दिसांचो आसा. पेट्रोलियम आणि नैसर्गिक वायू मंत्रालयान पुनरुच्चार केला की, भारतातील पेट्रोलियम आणि एलपीजी पुरवणीची परिस्थिती पूराय पणान सुरक्षित आणि नियंत्रणात आसा. मंत्रालयान सांगले की, सगळ्या किरकोळ इंधन केंद्रार फाव तितली पुरवण आसा आणि देशभरात खंयच पेट्रोल, डिझेल वा एलपीजीचो उणाव ना.

गोंयचो इंधन पुरवठो सामको सुरळीत आसा अशी म्हायती गोंय पेत्रोल डिलर्स संघटनेचे अध्यक्ष नरहर ठाकुर हांणी दिल्या. लोकांनी panic buying करचे न्ही अशे आवाहन नरहरी ठाकुर हांणी केला. गोंयांत मुबलक प्रमाणात पत्रोल ,तशेंच डीजलाचो साठो आसा. हे शिवाय ह्या इंधनाचो रेग्युलर सप्लाय जाता अशे तांणी सांगले. पॅनीक बयिगांखातीर मागणी वाढला हे तांणी मान्य केला. इंधनाच्या टॅंकर बोट कालुच मुरगांव बंदराचेंर पावला. गोयांक इंधनाचो 15 दिसाचो पुरवठो आसा अशी म्हायती तांणी दिल्या. इंधन सोपला ही फकत वावडी अशे तांणी म्हणला.

Rashmi – 100

गोंय पुलीस , न्यायालयीन विज्ञान, बंदखण, आनी भलायकी खात्याच्या सहकार्यान पणजे कला अकादेमींत 26 ते 28 मार्च 2026 मेरेन न्याय संहिता विशीं प्रदर्शन घडोवन हाडला. ह्या प्रदर्शनाचे उक्तावण पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांच्या हस्तुकी जाले.भारतीय न्याय संहिता चालीक लावपी गोंय हें पयलें राज्य जालां अशें पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांणी ह्यावेळार सांगलें. ह्या प्रदर्शनांत न्याय संहितेवीशी म्हायती दीवपी 40 मिनटांचे नाटकुले ह्यावेळार गोय पुलिस कर्मचाऱ्यांनी सादर केले, तशेंच नव्या कायदेशीर चौकटी खाला सुरू केल्ल्या

मुखेल खाशेलपणां आनी मुखेल सुदारणां विशीं विद्यार्थ्यांक, भागधारकांक आनी सामान्य लोकांक शिक्षण दिवपाचो हेतू आशिल्ले विशयात्मक जागृताय दालना आसात. नागरिकां मदीं अद्ययावत कायदेशीर तरतुदीं विशीं जागृताय निर्माण करपाच्या आनी समजूत वाडोवपाच्या यत्नांचो हो उपक्रम एक भाग आसा.

Rashmi – 100

राम नवमीची परब काल देशभरा सयत गोयातुय व्हडा भक्तीभावान मनयली. रामाक पाळण्यात घालुन तशेच राम जल्माची आख्यायिका सांगपी पदा गावंन ह्य परबेची सुरुवात जाली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्री निळकंठ हर्ळर्णकार हांचे सयत कोलवाळच्या राम मंदिरात श्री रामाचे दर्शन घेतले, तशेच राम जल्माच्या फाटभुयेंर रामाक पाळण्यातत घाल्या उपरांत पाळणे हलोवपाच्य धार्मिक विंधीत वाटो घेतलो. ह्या शुभ प्रसंगार आमी धर्माच्या तत्वांप्रती आमची वचन बध्डता वाडोवया आनी शांतीकाय, सलोखो आनी आमच्या समाजाच्या भरभराटी खातीर एकवटान काम करूया अशे गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी संदेशात म्हणला रामनमीच्या शुभ प्रसंगार रामनमीचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, बरी भलायकी आनी समृध्दी घेवन येव, आनी आमकां सत्याचो मार्ग दाखोव, अशें मुखार राज्यपालान संदेशात म्हणला.

Ponda – 100

फोंडा विधानसभा मतदार संघाच्या वेंचणूक अधिकाऱ्यांनी अनुपस्थित मतदारांच्या खाशेल्या वर्गांखातीर घरांतल्यान मतदान (home voting) प्रक्रियेक सुरू जाल्ल्याची अधिकृत घोषणा केल्या. भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण,वेंचणूक अधिकारी पांडुरंग तळगांवकर हांणी कळयलां की, ८५ वर्षां वयर पिरायेच्या ज्येष्ठ नागरिक आनी वेंचणूक डेटाबेसात विशेषरीत्या नोंद आशिल्ले दिव्यांग व्यक्ती ह्या सुविधे खातीर पात्र थरतले. मतदान प्रक्रिया २९ मार्च २०२६ सावन सुरू जावन ३१ मार्च २०२६ मेरेन, अशे तीन दीस चलतली. ह्या काळांत, ज्या मतदारांनी पयलींच 'फॉर्म १२-डी' (Form 12-D) वरवीं अर्ज सादर केल्यात, तांच्या नोंदणीकृत पत्यार खासा वेंचणूक पंगडां भेट दितलीं. घरांतल्यान मतदान करपाची ही प्रक्रिया सकाळीं ९:०० ते सांजवेळा ५:०० वरां मेरेन जातली.

Rashmi – 120

मोपा विमानतळाचेंर पॅक हावस उबारपाखातीर goa agriculture livestock marketing board तशेच gmr airport हांचेकडे कबलात केला. मोपा विमानतळाचेंर तयार जावपी ह्या पॅक हावसात निर्यात करपी म्हाल वा वस्तु पॅक हावसाच्या मार्गदर्शक तत्वाप्रमाण पॅकेजिंक करप गरजेचे आसता. agriculture and processed food products export development authority संस्थेच्या मार्दर्शक तत्वाप्रमाण तशेचं पॅक हावस बांधपाखातीर सवलतीचो लाव घेवन उबारतले. गोंयचे शेतकार तांची पिकावळ निर्यात करपाक शकतले अशी म्हायती गोंय शेतकी संचालनालयाचें संचालक संदिप फळदेसाय हांणी दिल्या

स्पोर्ट्स 20

काल मालदीवच्या माले हांगाच्या नॅशनल फुटबॉल स्टेडियमांत जाल्ल्या दक्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशनाच्या 20 वर्सां सकयल्या सर्तींत गतविजेत्या भारतान पाकिस्तानाचेर 3-0 अशी दणदणीत जैत मेळोवन आपली मोहीम सुरू केली.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान25 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.